**अशोक चक्र श्रेणीतल्या वीरता पुरस्कारांखातीर नामांकनां मागयल्यात**

ता. 3 ऑक्टोबर 2024

गृह वेव्हार मंत्रालयान प्रजासत्ताक दिसा (2025) जाहीर करपात येवपी अशोक चक्र श्रेणीतल्या वीरता पुरस्कारांखातीर नामांकनां मागयल्यात. गुणवत्ता आनी शौर्य- वीरता अशा वैयक्तिक कार्याचो भोवमान करपाखातीर भारत सरकारा वतीन अनेक पुरस्कांर भेटोवपात येता. अशोक चक्र शौर्य पुरस्कारांची श्रेणी देशातल्या सर्वोच्च शौर्य पुरस्कारां मदली एक आसा. हे पुरस्कांर तीन श्रेणींत दितात जशें अशोक चक्र (आत्मबलिदानाच्या कांय धाडसी वा प्रख्यात शौर्याखातीर), कीर्ती चक्र (उत्कृश्ट शौर्याखातीर) आनी शौर्य चक्र (शौर्याखातीर) पुरस्कार दितात.

भारत सरकार दर वर्सा प्रजासत्ताक दीस आनी स्वातंत्र्य दिसाच्या प्रसंगार हे पुरस्कार जाहीर करता. संरक्षण दळांच्या कर्मचाऱ्यांसयत जीणेच्या सगळ्यां घटकांतले नागरीक, पुलीस दळ, केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ आनी रेल्वे सुरक्षा दळाचे कर्मचारी लेगीत ह्या पुरस्कारांखातीर पात्र आसात. नामांकनां 15 ऑक्टोबर 2024 मेरेन धाडपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/546

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.